गोंय सरकार

म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें

पणजी गोंय

सरकारी पत्रक

**राज्यपालाकडल्यान गोंयच्या लोकांक चवथीची परबीं**

ता. 31 ऑगस्ट 2019

राज्यपाल श्रीमती मृदुला सिन्हा हांणी गोंयच्या लोकांक चवथीची परबीं भेटयल्या. राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, "गणेश चतुर्थीच्या शुभ प्रसंगार हांव गोंयच्या लोकांक म्हजी मनाकाळजासावन परबीं आनी शुभकामना दिता. गणेश चतुर्थी हो एक लकलकणारो आनी उमेदीचो उत्सव जो भारतात सगलेकडेन तेंच उमेदीच्या भावनेन मनयतात. श्रीगणेश भावार्थ, समर्पित भावना, निश्ठा आनी राखणेचे प्रतिक जावन आसा. श्रीगणेशाक यशाची देवता मानतात. श्रीगणेश आपल्या भक्तांच्या मार्गांतले विघ्न पयस करून तांची इत्सा पुर्ण जावपाक आशिर्वाद दिता. म्हणून "विघ्नहर्ता" हे एक गणेशाचे नाव लोकप्रिय आसा, जाचो अर्थ विघ्न पयस करपी.

राष्ट्रवादी फुडारी आनी ब्रिटिशांनी वर्णन केल्ले प्रमाण भारतीय अशांततायेचे जनक बाळ गंगाधर टिळक हांणी खाजगी आनी घरगुती गणेश उत्सवाचे रूपांतर सार्वजनीक आनी दबाजान मनोपात केले. भारतीयांक एकठाय हाडपाची चड गरज आसा, हे तांका दिसले आनी सार्वजनीक गणेश उत्सवातल्यान गणेशाची आराधना करपी चडात चड भारतीयांक एकत्र हाडप शक्य आसा, हांची जाण तांका जाली. टिळकांनी पळयले, प्रत्येक मनशाखातीर श्रीगणेश आराध्य दैवत आसा. गरीब, श्रीमंत मनीस गणेशाची आराधना करतात. सामाजीक मतभेदांमदले अंतर भरून काडपाखातीर तांणी गणेश चतुर्थी एक राष्ट्रीय उत्सव म्हुण लोकप्रिय केलो. 1893 वर्सा टिळकांनी गणेश उत्सव एक सामाजीक आनी धार्मिक सुवाळो म्हुण आयोजीत केलो. भव्य गणेश मुर्ती आनी देखाव्यांची परंपरा सुरू जाली. भव्य मिरवणुकीन गणेश मुर्तीचे विसर्जन जावपाक लागले. सगळ्यां जाती आनी समाजातल्या लोकांक एकठाय येवपाचो उत्सव जालो.

ते खातीर आमी ह्या प्रसंगार श्रीगणेशाच्या कृपेन इश्टागत, भावपण आनी परस्पर समजीकायेन जगपाक समर्पित जावया. हो उत्सव प्रत्येकाच्या जीणेत शांतीकाय, उत्साह आनी भरभराट घेवन येव" अशें राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा.

म्हा /सप/ एमएस/ जॉआ/ विगां/ 2019/559

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA